**शाळांनी कोडिंग आनी रोबोटिक्स अभ्यासक्रम सुरू करपी गोंय पयले राज्य - मुख्यमंत्री**

ता. 15 ऑगस्ट 2024

माध्यमिक शाळांनी कोडिंग आनी रोबोटिक्स अभ्यासक्रम सुरू करपी गोंय हे पयले राज्य आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे पोरण्या सचीवालया सामकार आयोजीत राज्य पावंड्यावयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत जनतेक उद्देशून उलयतना सांगलें. 19 डिसेंबर 2024 मेरन गोंय राज्य शंभर टक्के साक्षर करपाचे उद्दीश्ट आसून शिक्षणाच्या मळार स्टॅम, एआय आनी रोबोटिक्स अभ्यासक्रम सुरू करपाचेर सरकारचो भर आसा, अशें तांणी सांगलें.

गोंयच्या जनतेक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटोवन मुख्यमंत्र्यान देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर स्वातंत्र्य सैनिकांनी केल्लो त्याग आनी बलिदानाचे स्मरण केले. सरकारी आयटीआय संस्थांतल्या अभ्यासक्रमाचो दर्जो वाडोवपा खातीर आनी नवीन अभ्यासक्रम सुरू करपा खातीर राज्य सरकारान टाटा टेक्नोलॉजी संस्थेवांगडा कबलात केल्ली आसा. कुशळटाय विकासाखातीर आयटीआय संस्थांनी सोलर टेक्नोलॉजी, फायर टेक्नोलॉजी, ड्रोन टेक्नोलॉजी, उद्देगीक सुरक्षा, आदरातिथ्य वेवस्थापन अशें अभ्यासक्रम सुरू करपात येतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयच्या अर्थवेवस्थेत पर्यटन क्षेत्राची भुमिका म्हात्वाची आसून युवकांनी ह्या क्षेत्रातल्या उद्देगांनी रोजगार मेळोवपा खातीर आवश्यक प्रशिक्षण घेवपाची गरज आसा. गोंयच्या खाजन शेतीच्या पुनरूज्जीवना खातीर गोंय खाजन विकास आनी जतन मंडळाची स्थापणूक करपाची घोशणा मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार केली. गोंयची शेत जमीन राखून दवरपा खातीर राज्य सरकारान गोंय जमीन महसूल कायद्यात दुरूस्ती केल्ली आसा. तशेंच राज्यांत फुडल्या वर्सा सावन गोंय पशुचिकित्सा म्हाविद्यालय सुरू करपात येतले, अशीय घोशणा तांणी केली.

सरकारी खातीं आनी हेर सरकारी आस्थांपनांतली कॅंटिनां आनी कॅटरिंग सेवा चलोवपाक आप मजत गटांक दिवन रोजगार संदीं निर्माण करपा खातीर मुख्यमंत्री अन्नपुर्णा येवजण सुरू करपात येतली,अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

2047 मेरेन विकसीत भारताचे उद्दीश्ट साध्य करपाच्या देशाच्या वाटचालीक गोंय राज्याचे योगदान म्हत्वाचे आसतले, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं उत्कृश्ट सेवेखातीर अग्निशमन सेवा दळाचे संचालक श्री. नितीन व्ही. रायकर हांका राष्ट्रपती पदक प्रदान केले. श्री. साहिल भिसो लाड हांका जीवन रक्षा पदक भेटयले. तशेंच उत्कृश्ट सेवे खातीर प्रशासनातल्या हेर अधिकाऱ्यांचो सन्मान केलो.

स्वातंत्र्य सैनिक श्री. सुरेश सुब्राय पारोडकर, कुंभारजुवा, सर्गेस्त परशुराम एस. शाहापुरकर, फोंडा, सर्गेस्त पांडुरंग सगुण कुंडयकर, सर्गेस्त पुरूषोत्तम चोलू सावंत आनी सर्गेस्त वासुदेव यशवंत कुबल, दिवचल हांचोय भोवमान केलो.

सुवाळ्याक केंद्रीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्री श्रीपाद येसो नाईक, राज्यसभा खासदार श्री सदानंद शेट तानावडे, महसूल मंत्री श्री आतानासिओ मोन्सेरात, वीज मंत्री श्री. रामकृष्ण ऊर्फ

सुदीन ढवळीकर, विरोधी पक्ष फुडारी श्री युरी आलेमाव, आमदार श्री. कार्लुस फेरेरा, मुख्य सचीव श्री पुनीत कुमार गोयल, सरकारी सचीव, वरिश्ट सरकारी अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक आनी हेर मानेस्त, नागरीक आनी विद्यार्थीं उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/411

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.